07.04.2026 7.20 pm

- संवसारीक भलायकी दिसच्या फांटभुयेर गोंयचे भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी  सशक्त, बळिश्ट आनी घटमुट समाज उबारपाखातीर गोंय सरकार कटीबद्‌ध आसा अशे म्हणला.
- कॉमन वेल्थ पार्लमेंटरी असोसिएशन (CPA) इंडिया रीजन झोन - 7 ची परिषद गोयात 8 ते 10 एप्रिल, मजगती जावपाची आसा
- देशभरांत पेट्रोल, डिझेल, एलपीजी आनी पीएनजीची  पुरवण सुरळीत आसा अशें सरकारान सांगलां
- गोय विद्‌यापिठाच्या आंतर म्हाविध्यालयीन दादल्या क्रिकेट सर्तीत पणजीच्या दोन बोस्को महाविद्‌यालयान गोय वैजकिय महाविद्‌यालयाक हारावन विजेतेपद जोडले

Rashmi 130

संवसारीक भलायकी दिसच्या फांटभुयेर गोंयचे भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी  सशक्त, बळिश्ट आनी घटमुट समाज उबारपाखातीर गोंय सरकार कटीबद्‌ध आसा अशे म्हणला. गोंयांत भलायकी सेवा फकत सेवा न्हय-ती एक जापसालदारकी अशे म्हणटना नवनिर्माणान आनी अखंड समर्पणान  गोंयचो भलायकी मळ आमी घटमुट केला अशे तांणी म्हळा. अंत्योदय तत्वाक महत्व दींवन तशेंच तंत्रज्ञानाच्या मजतीन गोयात बरी भलायकी सेवा राज्य सरकार दीता अशे तांणी सांगले.  बरो दर्जो  आशिल्ली भलायकी सेवा दरेका नागरिका मेरेन पावची हे खातीर आमी सतत वावुरतात. गोंयचें मॉडेल आयज लोक केंद्रीत शासनाचे गवाय म्हणून उबें आसा-जंय सुलभताय, कार्यक्षमताय आनी स्वाभिमान हांचो मुळावो भाग आसा. आमी मुखार वतना, संवसारीक मळार आमचे यत्न दाखोवपा वांगडाच भारताच्या भलायकेन भरिल्ल्या राष्ट्राच्या दृश्टीकोनांत योगदान दिवपाक आमी कटिबद्‌ध उरतात. निरोगी नागरिक हे विकसित भारताची बुन्याद असा अशे विश्वजीत राणे हांणी म्हळा.

हेल्थ 60

उत्तम भलायकी ही एका सुखी, उत्पादक आणि समृद्‌ध समाजाची बुनयाद अशे जागतिक भलायकी दिसा निमित्त एका सोशल मीडिया पोस्टात उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन हाणी

म्हळां. प्रतिबंधात्मक भलायकी सेवा, संतुलित जीवनशैली आणि सगळ्यां खातीर दर्जेदार वैजकीय सेवांची समान उपलब्धता हांका प्रोत्साहन दिवन एक निरोगी राष्ट्र घडोवपाच्या आपल्या वचनबद्धतेची परत एकदा पुष्टी करपाचे आवाहन ताणी केले. उपराष्ट्रपतींनी करुणा आणि वचनबद्धतेन मानवतेची सेवा करपी भलायकी कर्मचाऱ्यांच्या अथक समर्पणाची प्रशंसाय केली.

Nadda 110

जागतिक भलायकी दिसानिमित्त,भलायकी आणि कुटुंब कल्याण मंत्री जगत प्रकाश नड्डा हांणी सगले दोतोर, परिचारिका आणि फ्रंटलाइन कर्मचाऱ्यां विशी कृतज्ञता व्यक्त केल्या. त्यांच्या समर्पणान देशाची भलायकी सेवा व्यवस्था घटमुट उरता अशे तांणी म्हळां. हो दिस नागरिकांक त्यांच्या भलायकीची अधिक बरी जतनाय घेवपाची आणि संतुलित जीवनशैलीचे पालन करपाची याद करून दिता. देशाच्या भलायकी सेवेचो दृष्टिकोन प्राचीन ज्ञान आणि आधुनिक विज्ञानाचो मिलाफ आसा, जाका लागुन फक्त देशातच न्हय तर जगभरातल्या लोकांचे जीवनमान सुधार पाक मदत जाता अशे तांणी म्हणाले. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीच्या फुडारपणाखाला आयुष्मान भारत आणि पीएम भारतीय जनऔषधी परियोजनेसारख्या परिवर्तनकारी उपक्रमांनी भलायकी सेवा व्यवस्था घटमुट केल्या देखुन प्रत्येक नागरिका खातीर दर्जेदार उपचार अधिक सुलभ, परवडपी आणि सर्वसमावेशक जाल्यात अशे मुखार नडडा हांणी म्हणला

सुभाष 100

बायोटब्रा म्हळयार राज्य जीवशास्त्र शिक्षक संघटणेंन, गोवा सायन्स सेंटर (पणजी) आनी ‘अरण्य पर्यावरण संशोधन संघटना’ हांच्या सहकार्यान सोळावी राज्य पांवड्यावेली आंतर उच्च माध्यमिक पर्यावरण प्रस्नमाची सर्त घडोवन हाडल्या. ही सर्त शेनवारा 18 एप्रिल क सकाळीं पणजी-मीरामार हांगाच्या गोंय विज्ञान केंद्र आनी ग्रहालयाच्या मुखेल सभाघरांत जातली.अंदूच्या सर्तीचो मुखेल विशय ‘गोंयची जैवविविधताय आनी पर्यावरण यंत्रणा’, हातूंत मुखेलपणान गिरेस्त रानसंपत्ती, मोनजात आनी हांगाच्या पर्यावरणाचे म्हत्व हांचेर भर दितले. गोंयच्या सैम आनी वातावरणा विशीं विद्यार्थ्यां मदीं जागृताय निर्माण करप हो हे सर्तीचो मुखेल हेत आसा.15 एप्रिल मेरेन नोंदणी करून राज्यांतल्या सगळ्या उच्च माध्यमीक शाळांनी हे सर्तींत वांटो घेवचो अशे आवाहन बायोटब्रा संघटनेचे अध्यक्ष सागर कृष्ण परवार हांणी केला.

महेश 70

कॉमन वेल्थ पार्लमेंटरी असोसिएशन (CPA) इंडिया रीजन झोन - 7 ची परिषद गोयात 8 ते 10 एप्रिल, मजगती जावपाची आसा. ते विशीचे मीडिया सल्लागार,पत्र सूचना कार्यालय आणि प्रसारण मंत्रालय भारत सरकार प्रेस माहिती ब्युरो माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयान जारी केल्या. ह्या कार्यावळीक लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला, राज्यसभा उपसभापती हरिवंश सिंह, ८ एप्रिलाक दनपारा देडाक दाबोली आंतरराष्ट्रीय विमानतळर पावतले. हे विशीची या वृत्तांकना खातीर वार्ताहर/कॅमेरामन/छायाचित्रकार हांची नियुक्ती करची अशे पीआयबी संचालक नाना मेश्राम हाणी आवाहन केला

निखील 290

प्रसार भारती प्रादेशिक खबरा विभाग दूरदर्शन केंद्र, पणजी हांगा प्रादेशिक खबरा विभागात 'नैमित्तिक नेमणूकदारांच्या' (Casual Assignees) पदा खातीर अर्ज मागयता.

संपादकीय सहाय्यक (कोंकणी):वय: २५ - ५० वर्षे

आवश्यक पात्रता:

a) मान्यताप्राप्त विद्यापीठाची पदवी b) मान्यताप्राप्त विद्यापीठाची पत्रकारितेतील पदवी/पदविका (

c) बातमी प्रसारण / बातमी संस्थांशी संबंधित कामाचा किमान ३ वर्षांचो अणभव,a) राष्ट्रीय / आंतरराष्ट्रीय घडामोडींची माहिती/ओळख, b) कोंकणी भाषेत धावि उत्तीर्ण

बातमी वाचक (News Readers) (कोंकणी):

वय: २५ - ५० वर्षे आवश्यक पात्रता:(a) मान्यताप्राप्त विद्यापीठाची पदवी, (b) कोंकणी भाषेचे सखोल ज्ञान/प्रभुत्व, (c) कॅमेऱ्या समोर सहज वावूरपाक असो चेहरो आणि प्रसारणाक योग्य असो अत्यंत उत्तम दर्जाचो आवाज, (d) अचूक उच्चार, आणि आवाजातील योग्य चढ-उतार (modulation) (e) सद्यकालीन भारतीय आणि परदेशी घडामोडींचे ज्ञान

(a) पत्रकारितेची फाटभूय,(b) शैक्षणिक किंवा संबंधित क्षेत्रातील व्यावसायिक फाटभूय,

(c) दूरदर्शन/रेडिओ माध्यमात कामाचो अनुभव

a. हिंदी आणि इंग्रजी भाषेचे ज्ञान, b. बातम्यांच्या संदर्भात महत्त्वाच्या असलेल्या व्यक्तींच्या मुलाखती घेवपाची क्षमता

c. बातम्यांचे लेखन करण्याची आणि क्रीडा क्षेत्रातील घडामोडींचे वार्तांकन करपाची क्षमता

CG ऑपरेटर (कोकणी):

वय: २१ - ५० वर्षे

आवश्यक पात्रता:a) मान्यताप्राप्त मंडळाकडून बारावी उत्तीर्ण

b) Computer Application) प्रमाणपत्र a) देवनागरी लिपीतील कोकणी टंकलेखनाचा (Typing) एक वर्षाचा अनुभव.

वेबसाईट सहाय्यक (Website Assistant):

वय: २१ - ५० वर्षे

आवश्यक पात्रता: अ) मान्यताप्राप्त विद्यापीठाची पदवी.

ब) मान्यताप्राप्त विद्यापीठाचा पत्रकारिता (Journalism) / जनसंवाद (Mass Communication) मधली पदविका

दृकश्राव्य माध्यम (Audio-visual medium) आणि 'न्यू मीडिया' (New Media) कामकाजाचा अनुभव,

ही नियुक्ती पूराय पणान तात्पुरत्या स्वरूपाची आसतली. या पदाचे कायमस्वरूपी नियमितीकरण (Regularization) करण्याबाबत कस्लोच दावो करपाक मेळ्चो ना.

३. इत्सुक आणि पात्र उमेदवारांनी आपला सविस्तर बायो-डेटा (Bio-data) धाडचो वांगडा आपली शैक्षणिक पात्रता आणि अनुभवाच्या आवश्यक कागदपत्रांच्या Attested छायाप्रती जोडच्यो पासपोर्ट आकाराचो हलीचे रंगीत छायाचित्र जोडचे

अर्ज 'उपसंचालक (वृत्त) / RNU मुखेली दूरदर्शन केंद्र, आल्तीन्हो, पणजी - हांगा धाडचो पाठवावा. पाकिटार स्पष्टपणन अमुक पदा खातीर अर्ज' असे नमूद करचे

अर्ज करपाची निमणी तारीख: ३० एप्रिल आसा

DIP 130

पेट्रोलियम आणि नैसर्गिक वायू मंत्रालयान जाहीर केला की, २-३ मार्च मजगती स्थलांतरित मजुरांक जाव्पी सिलेंडरच्या सरासरी दिसपटटया पुरवठ्याच्या आधारार, प्रत्येक राज्यात स्थलांतरित मजुरांक वितरणाखातीर उपलब्ध अशील्या ५ किलो एफटीएल सिलेंडरची दैनंदिन मात्रा आदीच्या २०% च्या मर्यादेपलतडी दुप्पट केल्या . हे ५ किलो एफटीएल सिलेंडर तेल कंपन्यांच्या मदतीन, फक्त त्यांच्या राज्यातल्या स्थलांतरित मजुरांक वितरीत करपाक राज्य सरकार वा त्यांच्या अन्न/नागरी पुरवण विभागा कडे आसतले. (NSD) मजगती देशभरांत पेट्रोल, डिझेल, एलपीजी आनी पीएनजीची पुरवण सुरळीत आसा अशें सरकारान सांगलां. अस्तंत आशियांतल्या ताज्या घडामोडीं विशीं आयज नवी दिल्लींत जाल्ले आंतर मंत्रालयीन बसकेंत म्हायती दितना पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयाची संयुक्त सचीव सुजाता शर्मा हांणी सांगलें कि , खंयच्याच एलपीजी वितरक केंद्रांत साठो सोपिल्ल्याची म्हायती मेळूंक ना. सगळे पेट्रोल पंप सुरळीतपणांन चलतात आनी पेट्रोल आनी डिझेलाची फावो ती उपलब्धताय आसा, आनी तातूंत उणाव जावंक ना अशें तांणी सांगले

Shah 40

केंद्रीय सहकार मंत्री अमित शाह यांनी २०२५-२६ वर्सा खातीर एक लाख कोटी रुपयांचो वार्षिक उलाढालीचो पावडो हुपल्या बद्दल सारस्वत सहकारी बँक आणि अमूल यांचे अभिनंदन केले.शाह हाणी म्हणले की, ही कामगिरी फक्त सहकारी बँकिंग आणि दुग्धव्यवसाय क्षेत्रा खातीरुच इतिहासिक ना तर ती आत्मनिर्भर भारत घडोवपाच्या प्रवासाक नवी ऊर्जा लेगीत दितली

DIP 40

नव अप्रीलाक जावपी पोटवेंचणूकें खातीर सरकारान फोंडें विधानसभा मतदारसंघातले मतदार आशिल्ले उद्देगीक कामगांर, सरकारी खातीं आनी उद्देगांनी दिसवड्याचेर आनी नैमित्तीक काम करपी, खाजगी वेपारी आस्थापनांनी काम करपी आनी हेर खाजगी आस्थापनांनी काम करपी सगळें कामगार/कर्मचाऱ्यांखातीर मतदानाच्या दिसा भरपगारी सुटी जाहीर केल्या.

स्पोर्ट्स 15

गोय विद्यापिठाच्या आंतर म्हाविध्यालयीन दादल्या क्रिकेट सर्तीत पणजीच्या दोन बोस्को महाविद्यालयान गोय वैजकिय महाविद्यालयाक हारावन विजेतेपद जोडले

वेदर 20

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्ले प्रमाण गोयात कमाल तापमान ३३.४ डिग्री celcius जाल्यार किमान तापमान २२.५ डिग्री celcius नोंद जाल्या